

# ।। अथ श्रीसाईसच्चरीत ।। अध्याय ४० ।।

।। श्रीगणेशाय नमः ।। श्रीसरस्वत्यै नमः ।। श्रीगुरूभ्यो नमः ।। श्रीकुलदेवतायै नमः ।। श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ।। श्रीसद्गुरुसाईनाथाय नमः ।। धन्य धन्य श्रीसाईसमर्थ । ग्रंथरुपान सुवार्थ परमार्थ । बोधून भक्तांक करता [1]कृतार्थ । जो कृतकार्यार्थ मेळयता ।।१।। पडटकूच माथ्यार जांचो हात । करता जो तत्काळ शक्तिपात । [2]अप्राप्य वस्तू करता प्राप्त । निष्पात करून भेदाचो ।।२।। घालोवन हांव–तूं भाव भिन्न । जांकां करतकूच साश्टांग नमन । धरता काळजा कडेन वेंगावन । वतकूच शरण अनन्य ।।३।। नांवान वेगळीं सागर–सरिता । तरीय रुपांत एकरुपता । पावसांत जेन्ना मिलन जाता । उरना वेगळेपण इल्लेंय ।।४।। सद्गुरूनाथांक तेच भावनेन । अनन्य भक्तीन येतकूच शरण । तोय भक्तांक निजगुरूपण । दिता पळोवन तांची सद्भक्तताय ।।५।। जयजयाजी दीनदयाळा । भक्त उद्धारा परमप्रेमळा । व्यापून अखील ब्रह्मांडमाळा । रावता तूं निराळो शिरडींत ।।६।। पांय सोडून दांतें मांडटा । संत आसुनूय दळण दळटा । खुंटी मारून [3]वैरा रिचयता । अजाप म्हज्या मनाक ।।७।। तेंच तर ह्या ग्रंथाचें मूळ । मनांत इत्सा जाली प्रबळ । कीं ही अशी कर्मां सकळ । सांगतकूच जातलें निवारण दोशांचें ।।८।। हरी स्वता जातलो प्रसन्न । ताका आवडटा निजभक्तीन । कोणेंय केलें जाल्यार किर्तन । वा गुणवर्णन भक्तांचें ।।९।। दुबाव घेतले श्रोते सज्जन । जांकां निराधार दिसतलें हें विधान । तांणी

---

१. धन्य. २. जी मेळप अशक्य ती. ३. सदांच्या खर्चा खातीर लागपी शिधो.

पळोवचें भविश्योत्तर-पुराण । त्रिपुरारी कथन करी हें ।।१०।। हीय सगली साईंची प्रेरणा । मात लोकीक रितीन निदर्शना । ताणेंच केली ही रचना । भक्तकल्याणा खातीर ।।११।। म्हणुनूच दर म्हयन्याक । साईसमर्थ कथानक । हे श्रीसाईलीलावलीक । आयकतात श्रोते भोव प्रेमान ।।१२।। तोच तो साई अनुमोदपी । तोच तो म्हाका बुद्दी दिवपी । तोच मूळ जिणेशक्त दिवपी । करता तोच कथा ताची ।।१३।। हो हेमाड रचता आपले बुद्दीन । रावूं नाकात ह्या भ्रमान । म्हणून श्रोत्यांनो मागतां नमळायेन । मारूं नाकात माथ्यार गूणदोश ।।१४।। गूण तरी ते साईंचे । दोश दिसले तरी तेय तांचे । हांव बावलें साईखड्याचें । आदारान नाचतां सुताच्या ।।१५।। सुत्रधाराच्या हातांत सूत । ताका दिसतलें तें तें चित्र । रंगयाळें वा विचित्र । नाचयतलो तो चरित्रयुक्त ।।१६।। आसूं, आतां हो प्रस्ताव । कसलो नवो कथानवलाव । उमळशीक लागिल्लो श्रोत्यांचो सभाव । गुरूभक्त गौरव तो गावया ।।१७।। फाटलो अध्याय सोंपयतना । फुडल्या अध्यायाची कुरू जेन्ना । सांगतां म्हणिल्ली स्मरतली तेन्ना । याद जाली ती आतां आयकात ।।१८।। आतां हें गोड आख्यान । श्रोत्यांनो आयकात सावधान । भक्तान प्रेमान घाल्यार जेवण । परम समाधान साईंक ।।१९।। आपल्या सानुल्याक दयाळू आई । तसो निजभक्तांक प्रत्यक्ष साई । आसूं खंयूय धांवत [१]येई । पावयत कोण तांचे उपकार ।।२०।। देहान वावुरताले शिरडींत । तरीय संचार तिनूय लोकांत । ह्या अर्थाचो गोड वृत्तांत । आयकात मन शांत दवरून ।।२१।। एकदां साईचरणीं एकनिश्ठ । [२]बाळासाहेब भक्तश्रेश्ठ । आवय जांची उपासतपासनिश्ठ । कल्याण मागताली सगल्यांचें ।।२२।। एकवतां तिच्या हातांतल्यान । तरातरांचीं गेल्लीं घडून ।

---

१. येता. २. डहाणूचे मामलेदार बाळासाहेब देव.

उद्यापनां बगर उरिल्लीं अपूर्ण । फळ तांचें मेळपाक ॥२३॥ एकवत योग्य जातकूच पूर्ण । करचें पडटा उद्यापन । नाजाल्यार पदरांत पडना पुण्य । उरता अपूर्ण ताचे बगर ॥२४॥ एकवतां पंचवीस वा तिशेक । इतल्यांचें उद्यापन करपाक । शंबर दोनशीं ब्राह्मणांक । आपयले देवांन जेवपाक ॥२५॥ म्हणून थारायली तीथ एक । उद्यापन हें करपाक । देवांन बरयलें पत्र जोगांक । करची म्हूण विनंती बाबांक ॥२६॥ पळयात तुमी जर आयलेना । उद्यापन हें पूर्ण जावचें ना । तरी मान्य करून ही प्रार्थना । करचे उपकार ह्या दीनाचेर ॥२७॥ हांव सरकाराचो सेवेकरी । पोटा खातीर करतां चाकरी । तातुंतूच जमल्यार परमार्थ [1]करी । जाणटात तुमीय पुरायेन ॥२८॥ इतलो पयस डहाणुच्यान । स्वता येवप म्हाका अशक्य म्हणून । धाडिल्लें आमंत्रण हें स्विकारून । येतले तुमी ही आस म्हाका ॥२९॥ अशें बापूसाहेब जोगान । पत्र पुराय दाखयलें वाचून । म्हणलें बाबांक तुमी येवन । करात इत्सा पूर्ण देवांची ॥३०॥ शुद्ध भावाचें आमंत्रण । बाबांनी पुराय घेतलें आयकून । म्हणलें ''जाका म्हजें स्मरण । निरंतर ताची याद म्हाका ॥३१॥ लागना म्हाका गाडी घोडी । विमान वा आगगाडी । म्हाका उलो जो मारता आवडी । पावतां थंय हांव रोखडोच ॥३२॥ तूं, हांव आनी तिसरो एक । तिगूय मेळून वचुया उद्यापनाक । धाडून दी असो [2]लेख । जातलो खुशाल आपोवपी'' ॥३३॥ आसूं, बाबा जें जें उलयले । तें तें जोगांनी कळयलें । देव मनांत खुशाल जाले । प्रेमळ उतरांनी ह्या बाबांच्या ॥३४॥ देवांचोय परम विस्वास । बाबा येतले हमखास । मात हें जेन्ना अणभवाक । येतलें तो दीस भाग्याचो ॥३५॥ तरीय देवांक हाचीय जाणीव । शिरडी सोडून फकत तिनूच गांव । थंयसरूय चुकुनूच वताले

१. करतां. २. पत्र.

साईदेव । रावताले निरंतर शिरडींत ॥३६॥ चार-स म्हयन्यांनी दीस एक । मनांत आयल्यार वताले [1]राहात्याक । केन्ना रुईक वा निमगांवाक । रावताले मात शिरडींतूच अखंड ॥३७॥ सोडल्यार हे गांव तिनूच । वचनासले आनीक खंयूच । मागीर इतले पयस म्हजे सरेनूच । येतले कशे डहाणूक ॥३८॥ पूण ते पूर्ण लिला अवतारी । इत्सा जायत तशे स्वच्छंद विहारी । येवप वचप हें [2]लोकाचारी । भायर-भितरल्यान परिपूर्ण ॥३९॥ थंयच्यान हांगा जातलें येवप । वा हांगाच्यान थंय वचप । हें सगलें आकाशांतल्यान जावप । परिपूर्ण पुरायेन सबाह्य ॥४०॥ बाबांक खंयची कठीण वाट । ते भरल्यात स्थिरचरांत । तांकां कसलें येवप वचप । जाताले प्रगट इत्शे प्रमाण ॥४१॥ आसूं, हाचे आदीं संन्याशी एक । एका म्हयन्याच्या अदमासाक । आयलो मेळूंक स्टेशन मास्तराक । कामाक डहाणू स्टेशनार ॥४२॥ तो गोशाळा प्रचारक । गोसंस्थेचो स्वयंसेवक । आयलो वर्गणी मागपाक । स्थिती सांपत्तीक सुदारपाक ॥४३॥ भेसान दिसतालो बंगाली । मास्तरान येवजण सांगली । सोय तुमची बरी जातली । वचात तुमी गांवांत ॥४४॥ थंय आसात मामलेदार । मांडात तांचे कडेन हो विचार । मेळटले शेठ सावकार । लायतले हातभार कार्याक तुमच्या ॥४५॥ एकले मामलेदारूच सरल्यार मुखार । हेरूय येतले करपाक आदार । पटी तुमची जमतली भरपूर । जातलें धर्मकार्य तुमचें फळादीक ॥४६॥ मास्तर उलयतात थंयच आसले । भायर घोड्याचें पावल वाजलें । मामलेदारूच स्वता हजर जाले । गेले देंवून स्टेशनांत ॥४७॥ मास्तरांक मेळपा खातीर । जेन्ना ते गेले भितर । संन्याशाक म्हणपाक लागले मास्तर । जाले पळयात हजर मामलेदार ॥४८॥ आतां तुमीच उलयात कितें तें ।

---

१. हे तिनूय गांव (राहाता, रुई आनी निमगांव) शिरडीच्यान २-३ मैलांच्या अंतराचेर आसात. २. लोकांक.

नशिबान मेळ्ळे तुमकां आयतें । संन्याशान तेन्ना तांकां सांगलें । कारण आपल्या येवपाचें ।।४९।। दोगूय मागीर आयले भायर । बसले थंयच एका पेटलार । संन्याश्यान देवांक सांगली खबर । म्हणलें कार्य घडपाक जाय ।।५०।। गोरक्षणाचें हें धर्मकार्य । मेळनासतना तुमचें सहकार्य । म्हज्या एकल्याच्यान हें कार्य । जातलें व्हय इल्लें तरी ।।५१।। तुमी तालुक्याचे अधिकारी । हांव तर हो असो भिकारी । भोंवतां लोकांच्या दारोदारीं । वाटावपाक उपासमारी गोरवांची ।।५२।। मेळ्ळ्यार तुमचो सांगात । कार्य म्हजें जातलें त्वरीत । मेळटले गोमातांचे आशिर्वाद । यश निर्विवाद तातूंतल्यान ।।५३।। आयकून म्हणणें संन्याश्याचें । गांवांत असलेच तरेचें । कार्य चालीक लागलां वर्गणेचें । सांगलें तांकां देवांनी ।।५४।। रावसाहेब नरोत्तम शेट । जांकां गरिबांची काकुळट । तांणी सध्या चलयल्या खटपट । वर्गणी जमोवपाची ते खातीर ।।५५।। अशा वेळार तुमचे वर्गणेक । आदार कशे करतले लोक । येवपांत हांगा तुमची जाली चूक । पळोवया फुडें केन्ना तरी ।।५६।। तरीय कांय दिसां उपरांत । येयात तुमी अशेच परत । तेन्ना दिवया तुमकां मदत । सध्या ना योग तुमकां ।।५७।। आसूं, मागीर तो गेलो थंयच्यान । जाल्लो नासत म्हयनो पसून । आयलो परत टांग्यांत बसून । पावलो हडाणूक देवांगेर ।।५८।। देवांच्या दारा मुखार । वकील परांजपे हांचें घर । थंयच टांगो थांबतकर । पळयलो देंवतना संन्याशाक ।।५९।। हो तर हालींच आयिल्लो तोच । आयलो दिसता वर्गणेक रोखडोच । अशा दुबावीत मनांतूच । देवांनी सांगलें भुरग्यांक ।।६०।। म्हयनो पसून जावंक ना । कित्याक परत आयलो कोण जाणा । सांगिल्लें कशें हाका कळना । हेंच कारण दुबावाक ।।६१।। टांगो ताणें थंयच सोडलो । कांय खीण तसोच रावलो । मागीर देवांच्याच घरांत आयलो । आयकात कितें लागलो सांगपाक ।।६२।। धा जावपाचो वेळ । जाल्लो

ब्राह्मण भोजनाचो वेळ । पळोवन देवांची धांवपळ । म्हणलें म्हाका ना ताकतीक पयशांची ॥६३॥ ''आया हूं न पैसे के लिये । आज तो हमकू भोजन चाहिये'' । देवांनी म्हणलें ''आओ आनंद है । घर ये समझिये आपका'' ॥६४॥ तेन्ना संन्याशी देवांक म्हणीत । ''हमारे दो बच्चे हैं साथ'' । ''बहोत अच्छी है ये बात'' । म्हणलें तांकां देवांनी ॥६५॥ आसलो जेवपाक कळाव । म्हणून तांकां विचारीत देव । ''कहां आपका उतारा है बताव । जहां मैं तपासकूं भेजूं'' ॥६६॥ ''क्या जरूर कब मैं आऊँ । किस घंटे मैं हाजर रहूं । जब बोलोगे तब आता हूं'' । लागलो संन्याशी सांगपाक ॥६७॥ ''अच्छा बच्चे लेके साथ । बारा घंटे होनेके बखत । आओ भोजन पाओ संत'' । सांगलें तांकां देवांनी ॥६८॥ आसूं, मागीर तो संन्याशी गेलो । ज्युस्त बारांक परत आयलो । तिगां सयत जेवपाक बसलो । जाले संतुश्ट त्या जेवणान ॥६९॥ जावन जेवणाची तयारी । ब्राह्मणांच्यो बसल्यो पंगती । सगल्यां वांगडा संन्याशाचीय तृप्ती । केली येजमान देवांनी ॥७०॥ वांगडाक दोगांक घेवन । आयलो संन्याशी आपूण जावन । तरी ताचें पूर्व प्रयोजन । पातळ्ळें आवरण मायेचें ॥७१॥ तातूंत हो कोण तरी सोयरो । जेवण करपाक आमगेर आयलो । इतलोच समज देवांचो जालो । दृढ जाली वृत्ती मोहाची ॥७२॥ अशे तरेन जालीं जेवणां । उत्तरापोशना शुद्ध आचमना । सुगंधशितळ उदक प्राशना । मुखशुद्धी दानां जालीं पूर्ण ॥७३॥ शिश्टाचार सुगंध फुलां । विडो अत्तर गुलाब दाना । दिलीं सगल्यांक आदर मना । व्हड खोशयेन देवांनी ॥७४॥ आसूं, मागीर अशे तरेन । सगले गेले घरा परतून । संन्याशीय वांगडच्यांक घेवन । गेले परत आपले सुवातेर ॥७५॥ जरीय आपयलेनात । तरीय ते वेळार येवन जेवीत । पूण देवांक दिसलेना ते बाबाच आसत । भरिल्लें मन तांचें दुबावान ॥७६॥ अशें जरी घडलें प्रत्यक्ष । तिगांकूय त्या

वाडले समक्ष । तरीय देव दुबावीत मनांत । आसले घेतूच साक्ष जोगांची ।।७७।। आसूं, जातकूच उद्यापन पूर्ण । देवांनी जोगांक धाडलें पत्र । म्हणलें बाबांक विचारात । फसयले कित्याक आपणाक ।।७८।। तुमीय वांगडा येतले । वळख कितेंय तरी दाखयतले । उलोवप आमचे कडेन जातलें । दिसचें ना कशें म्हाका अशें ।।७९।। तरीय ही अशी गत कित्याक जाली । म्हजीच कित्याक ही निरशेवणी केली । भोव उमळशिकेन वाट पळयली । आयलोना अणभव कसलोच ।।८०।। प्रेमान बाबांक आपयले तेन्ना । येतां म्हणिल्लें म्हाका शरणागता । पूण तें सगलें जालें अन्यथा । कशें हें सर्वथा कळना म्हाका ।।८१।। म्हजी येवपाची अडचण । बरयली पत्रांत भोव काकुळटेन । तरीय कळटकूच तुमी येतले म्हूण । खूब बरें म्हाका दिशिल्लें ।।८२।। आतां तुमी कसल्याय निमतान । येतले दिशिल्लें भेस बदलून । पूण तशें आयलेंना घडून । दिसलें भोव अजाप ।।८३।। जोगांनी तें सगलें वृत्त । साईचरणीं केलें निवेदीत । बाबांनी जावन अजापभरीत । आयकात कितें तेन्ना सांगलें ।।८४।। ‘‘पत्रूच सांगता म्हज्या फुड्यांत । दिसतात मनोवृत्ती त्या पत्रांत । वाच्चे आदींच निश्चीत । रावतात उब्योच साक्षात ।।८५।। तो म्हणटा हांवें उतर दिवन । फटयलो ताका येतां सांगून । सांग ताका ताणेंच वळखुंकना म्हणून । जाल्यार आपयिल्लो कित्याक ।।८६।। प्रत्यक्षांत हांगाच आसलों । तरीय उद्यापनाचें जेवून आयलों । दोगांक वांगडा घेवन गेल्लों । आदींच सांगिल्ले प्रमाण ।।८७।। आसलो जेवपाक वगत । तेन्ना पयलीं एकलोच सुसेगाद । याद कर तो मनीस संन्याशी भेसांत । पयलो प्रवेश अशे तरेन ।।८८।। पळोवन आयलों वृत्ती अकल्पीत । पयशे मागतलों ही तुजी भिरांत । दिसूंक नासली व्हय तुका मनांत । केलो पयस तुजो दुबाव ।।८९।। येतलों फकत जेवपाक । वांगडा घेवन दोगांक । पाळो दिवन त्या

उतराक । जेवलों ना व्हय तुमगेर ।।९०।। पळय हांव म्हज्या उतरा खातीर । मरतलों, पूण वच्चों ना नेगार । म्हज्या मुखांतलें उतर । जावचें ना फट केन्नाच'' ।।९१।। अशें सांगतकूच साईनाथान । जोग खुशाल काळजांतल्यान । वचना फुकट केन्ना साईवचन । अणभव हो सदांच सगल्यांचो ।।९२।। फुडें मागीर हीच खबर । कळोवंक देवांक सविस्तर । जोगांनी एक धाडलें पत्र । भोव खुशाल मनान ।।९३।। देवांनी जेन्ना पत्र वाचलें । साईप्रेमान दोळे भरले । दुशण दिलें म्हूण खंती जाले । खेपपाक लागले स्वताकूच ।।९४।। धन्य बाबांचें महिमान । थूऽ म्हजो पोको अभिमान । पूण बाबाच संन्याशी हें अनुमान । कळना तेन्ना कशें जालेंना ।।९५।। कारण बाबांक दिल्लें निमंत्रण । ताचे आदींच तांचें पयलें आगमन । तेंय तांच्याच कार्याक लागून । करून निमीत वर्गणेचें ।।९६।। तांकां दिल्ली आपणें मुजत । कायं दिसांनी येवचें परत । तोच तो जर जेवण मागीत । वळखतलों कसो ते बाबाच म्हणून ।।९७।। मात बाबांचें तें वचन । 'येतलों जेन्ना जेवपाक आपूण । आसतले आनीक दोग जाण' । भान ताचें हांव विसरलों ।।९८।। बाबा दारांत आयिल्ले जेन्ना । दिशिल्ले जर 'ते' दोगूय तेन्ना । तेय फकत करपाक जेवणा । जाल्यार हांव नासलों फसपाचों ।।९९।। पूण तो आयलो गोरक्षणा हेतान । वर्गणी जमोवपाच्या निमतान । ताचे उपरांत साईंक आमंत्रण । धाडिल्लें तें उद्यापनाचें ।।१००।। म्हणून असो घोळ जालो । तातूंतल्यान हो प्रकार घडलो । जरी दोगां वांगडा येवन जेवलो । तरी तो दिसलो [1]अन्नार्थी ।।१०१।। नासतना वळख पाळख । जेवणा वेळार अशे आपसूक । घेवन येतकूच वांगडा दोगांक । दिसतले साईच कशे खात्रेन ।।१०२।। पूण ह्या संतांची अशीच रिती । अघटीत लिला अद्‌भूत कृती ।

---

१. जेवणाची इत्सा धरून आयिल्लो.

भक्तांच्या घरची कार्यस्थिती । स्वताच थारायतात ते आदींच ॥१०३॥ जातकूच चरणीं भक्त तल्लीन । ताच्या शुभकार्याचें संपादन । अशेंच जाता अकल्पीतपणान । करणी अतर्क्य अशी संतांची ॥१०४॥ चिंतिल्लें दिता चिंतामणी । कल्पवृक्ष दिता येवजिल्लें मनीं । कामधेनू काम [1]प्रसविणी । चिंतना भायलें दिता गुरूमाय ॥१०५॥ आसूं, हांगा बाबा निमंत्रीत । प्रगटत संन्याशाच्या रुपांत । मात तांची लिला अघटीत । येताले आपयनासतनाय बरेचदां ॥१०६॥ केन्ना फोट्याच्या रुपांत । केन्ना पार्थिव मुर्तिस्वरुपांत । अंतपार ना तांचे कृपेक । प्रगट्टाले स्वताच केन्नाय ॥१०७॥ ह्या अर्थाचो म्हजो अणभव । आयकल्यार श्रोत्यांक दिसतलो नवलाव । कळटलो साई लिलेचो प्रभाव । कथा ही अभिनव आगळी ॥१०८॥ ही कितें कथा, काय ही काणी । अशेय हिका म्हणटले कोणी । म्हणचें तें खुशाल तांणी । पूण ती आयकुपाक रावात तयार ॥१०९॥ आळस न्हीद तंद्री सोडून । जावन पूर्ण सावधान । आयकात कथा, दियात इतलेंच दान । जातलें तातूंत म्हजें समाधान ॥११०॥ गोंधळ खीण भिरकावन । स्वस्थचित्त शांत मन । जाल्यारूच उपेगाक येतलें श्रवण । फुडें मागीर मनन निजध्यास ॥१११॥ थंयच्यान फुडें साक्षात्कार । मात ह्या सगल्याक श्रवणाचो आदार । तोच ह्या सगल्यांचो सार । खात्रेन भवपार तातूंतल्यान ॥११२॥ सन एकोणीसशें सतराक । फाल्गून शुद्ध पुनवेक । न्हिदेंत आसतना सपन एक । पडलें म्हाका फांतोडेर ॥११३॥ पळयात साईंचें कृत्य । संन्याश्याचो करून भेस सोबीत । दिवन दर्शन म्हाका जागयत । सांगलें ''जेवपाक हांव येतां आयज'' ॥११४॥ सपनांतलें जागृतपण । तेंय फकत सपनूच पूर्ण । जागो जातकूच हांव कारण । लागलों स्मरण

---

१. जल्म दिवपी, माता.

करपाक ॥११५॥ पळयलें दोळे उगडून । ना साई वा नासलो कोण । नासलों हांव जागृत इल्लो पसून । भास तो सगलो सपनांतलोच ॥११६॥ अशी जातकूच खात्री मनाची । याद करपाक लागलों सपनाची । केली उजळणी अक्षर अक्षराची । खीण पसून विसरनासतना ॥११७॥ ‘‘येतां हांव आयज जेवपाक’’ । साईंच्या ह्या स्पश्ट उतरांक । आयकून खोस जाली मनाक । सांगलें घरकान्नीक रोखडेंच ॥११८॥ ध्यानीं मनीं साईंचो ध्यास । हो तर सदांचोच अभ्यास । सात वर्सांचो जरी सांगात । अपेक्षा नासली येत म्हूण जेवपाक ॥११९॥ आसूं, दवरलें तिका सांगून । होळयेची आयज परब जाल्ल्यान । एक माप चडूच तांदूळ घालून । रांद जेवण रुचीक ॥१२०॥ हें इतलें सांगतकूच तिका । सांगचेंच पडलें कारणूय म्हाका । म्हणलें लाभपाचो आसा आमकां । सोयरो आयज एक जेवपाक ॥१२१॥ तिणें विचारलें तो कोण । तीय भरिल्ली उमळशिकेन । पूण हांवें सांगल्यार कारण । फकांडांक संद मेळपाची ॥१२२॥ हेंय हांव जाणटालों पूर्ण । तरीय जावचें न्हय फटिंगपण । म्हणुनूच पूर्ण श्रद्धेन । सांगलें खरें तेंच तिका ॥१२३॥ तरीय हें आसता श्रद्धेचेर । जसो जो मानतलो ताचेर । खरी आसूं वा फट ती खबर । हें तर पुरायेन मनाचेर ॥१२४॥ कितलेंय सांगलें जरी पटोवन । मानपाक तयार ना तिचें मन । बाबा इतले पयस शिरडीच्यान । येतले हांगा कित्याक ॥१२५॥ कसलें आमचें हें जेवण । कसलें हें होळयेचें पुजन । थंयचें रुचीक अन्न सोडून । खातले पचकें कित्याक हांगाचें ॥१२६॥ उतरां तिचीं तीं आयकून । हांवें म्हणलें तिका थांबोवन । दवरपाक इल्लें चडूच रांदून । त्रास तुका कसले आसात ॥१२७॥ प्रत्यक्ष साईच जावन सोयरो । म्हणिना हांवूय आमगेर येतलो । पूण कोण तरी येतलोच येतलो । अशें दिसता म्हाका खात्रेन ॥१२८॥ मागीर तूं कितेंय मान । म्हजे खातीर तोच साई

समान । येवं दी साई वा हेर कोण । जातलें सार्थ सपन म्हजें ॥१२९॥ आसूं, अशें जालें भाशण । ते मेरेन दनपारचो वेळ जावन । जालें यथासांग होळी पुजन । वाडल्यो पत्रावळी जेवणाक ॥१३०॥ पूत सुनो नातरां । धूव जांवय सगलीं जाणां । पंगतीक बसलीं आपापल्या पानां । घाल्यो रांगोळ्यो रंगयाळ्यो ॥१३१॥ तेच पंगतींत आनीक एक । पाट मांडलो मदलशीक । पान साईं खातीर एक । वाडलें हेरांचे बरोबरीन ॥१३२॥ पाना भोंवतणीं रांगोळी । घाली सोबीत रंगयाळी । दरेकल्याक तांबयो पंचपात्र पळी । केली मांडावळ यथायोग्य ॥१३३॥ पापड सांडगे कोशिंबीर । वाडलीं लोणचीं रायतीं सुंदर । तरातरांची भाजी खीर । जाली तयारी भोवतेक ॥१३४॥ बारांचो वगत जाल्लो पळोवन । तयार जाले सोवळीं न्हेसून । बसले सगले पानार येवन । तरीय आयलोना परकी कोणूच ॥१३५॥ सगलीं पानां गेलीं भरून । वाडलें शीत पोळी वरण । रितें मदलें पान [1]सोडून । नासलो थंय उणाव कसलोच ॥१३६॥ कोणूय सोयरो वा पांथस्थ । येत म्हूण पळयताले वाट । उपरासलो दुबाव म्हज्या मनांत । तिश्टप तरी कितलें म्हूण ॥१३७॥ म्हणून घाली दाराक आडी । अन्नशुद्धी वाडली रोखड्यारोखडी । वैश्वदेव निवेद्य आवडी । पावलो वेळ जेवणाचो ॥१३८॥ जेवणाची जावचीच आसली सुरवात । वाजलीं दारार पावलां अचकीत । ''रावसाहेब खंय'' अशें विचारीत । बसले वचून सोंप्यार ॥१३९॥ हांवूच गेलों दारांत । कोण आसुंये आयलें मनांत । घालो हळूच खिळयेक हात । दिसले दोग जाण सोंपणांचेर ॥१४०॥ तांचे मदले एक अल्लीमहमद । दुसरे संत मौलाना–[2]शाग्रीद । इस्मू मुजावर [3]नामाभीध । हांसतमूख ते दोगूय ॥१४१॥ पानां वाडून मंडळी बसली । जेवणाची तयारी पळयली ।

---

१. सोडलें जाल्यार. २. शिश्य. ३. नांव.

पळोवन अल्लीन विनंती केली । त्रास दिले माफ करात ।।१४२।। दिसता तुमी आमकां लागून । आयले उठून पाना वयल्यान । तुमचे खातीर जेवप थांबोवन । उरल्या अडकून थंय पंगतूय ।।१४३।। तरी घेयात ही तुमची वस्त । मेळटां हांव काडून फुरसत । सांगतां नवलाव अती अद्‌भूत । पुरायेन हे विशींचो मागीर ।।१४४।। अशें म्हणून पोतयेंतल्यान । अल्लीन एक पार्सल काडून । मेजाचेर तें मुखार दवरून । लागलो आपुणूच उगडपाक ।।१४५।। सोडटकूच कागदाचो वयलो थर । दिसली साईंची मुर्ती भितर । म्हणलें घे ही तुजे कडेन दवर । आयक इतलेंच सांगणें म्हजें ।।१४६।। पळयतकूच फोटू साईंचो । आंगार म्हज्या फुल्लो कांटो । तसोच तो कपलाक लायलो । जालें सद्‌गतीत अंतस्कर्ण ।।१४७।। दिसलो व्हड चमत्कार । ही साईंची लिला विचित्र । दिसलें म्हाका केलो पवित्र । दाखोवन आगळें हें चरित्र ।।१४८।। लागली उमळशीक मनांत । खंयच्च्यान हो फोटू हाडलो आसत । तो म्हणटा घेवन विकत । हाडला आपणें दुकानांतल्यान ।।१४९।। फुडें मागीर ते दोगूय जाण । उबे रावलेनात खीण पसून । म्हणलें आतां वतात आपूण । करात जेवण सुसेगाद ।।१५०।। आतांच हे कथेचें कारण । सांगपाक गेल्यार विनाकारण । उरतलें सगल्यांचें जेवण । म्हणून सांगतां सवकास ।।१५१।। म्हाकाय तें दिसलें योग्य । फोटू येवप हो योगायोग । दिसलो म्हाका तो सुयोग । उलयलों मानीत उपकार ।।१५२।। बरें आतां येयात परतून । आमीय फुडें करुया निवेदन । फोटू हांगा येवपाचें कारण । गरज आयजूच पडली कित्याक ।।१५३।। आसूं, ते वयतकूच मागीर । साईं खातीर केल्ल्या पानाचेर । रांगोळी घाल्ल्या त्या पाटाचेर । दवरलो फोटू तो व्हरून ।।१५४।। सुखावलें सगल्यांचें मन । अतर्क्य साईंचें विंदान । अशा कारणान करून आगमन । केलें वचन सत्य सपनांतलें ।।१५५।। आयलोच जाल्यार कोणूय अतिथी ।

येवन थंय बसतलो पंगती । हीच आस्त जाचे चित्तीं । अजाप कितलें हें ताचे खातीर ।।१५६।। पळोवन चित्रांतली मूर्त सोबीत । जाले सगले खुशालभरीत । कशें हें घडलें अकल्पीत । भोव अजाप सगल्यांक ।।१५७।। अशें जातकूच प्रतिष्ठापन । केलें अर्घ्य-पाद्य पुजन । भक्तिभावान निवेद्य समर्पण । केली सुरवात सगल्यांनी जेवपाक ।।१५८।। म्हणुनूच ह्या काळा मेरेन । दरेके होळयेक ह्या फोट्यान । शिश्टाचार हो घेतला करून । अश्टोपचार पुजे सयत ।।१५९।। हेर पुजेंतल्या देवां सयत । हाकाय पुजताले देवाऱ्यांत । अशें हें साई अपूर्व चरीत । दाखयत भक्तांक पावला पावलार ।।१६०।। आसूं, फुडें ते दोगूय जाण । मेळुया आयज-फाल्यां करून । गेलीं णव वर्सां उलगून । तरीय जालेंना तांचें दर्शन ।।१६१।। कर्मधर्मसंयोगान अखेरेक । चलतना रस्त्यान दीस एक । अल्ली महमद पडलो नदरेक । घडली भेट अशी ताची ।।१६२।। रोखडीच लागली उमळशीक । विचारपाक फोट्याचें कवतूक । इतलीं वर्सां मोनेपण कित्याक । पांगरून तुमी बसल्यात ।।१६३।। जशी आदीं तशीच आयज । घडल्या ही भेट आपशींच । योग आयला हो सहज । सांगात ती गजाल पुराय ।।१६४।। तुमीय श्रीसाईंचे भक्त । खबर आसा म्हाका समस्त । पूण त्या दिसाच अचकीत । येवचें कित्याक दिसलें तुमकां ।।१६५।। तेन्ना अल्लीन केली सुरवात । म्हणलें खबर पुराय आयकात । पळयात साईंची लिला अद्भूत । अजापभरीत जी पुरायेन ।।१६६।। हे लिलेचो कितें अर्थ । कितें तातूंतलो निजकार्य अर्थ । कितें हातूंत भक्तांचो हेत अंतस्थ । साईच योग्य जाणटात ।।१६७।। आमी फकत एकामेकांनी । आयकुपाच्यो ह्यो लिला कानांनी । नातर त्यो गावपाच्यो मुखांनी । निःश्रेयसदानी म्हणून घेवन ।।१६८।। आसूं, आतां भाग फुडलो । फुडल्या अध्यायांत आयकुया सगलो । आयकुपी खुशाल जातलो ।

चरित्र [१]अमोघ साईंचें ॥१६९॥ साई निर्द्वेष आनंदघन । सदा भजन पुजचो अनवच्छिन्न । पावतले निजसूख-समाधान । जातलें मन निर्वासन ॥१७०॥ चातक सुवार्था खातीर विनयता । मेघ धरतरेक शांत करता । बाळासाहेब बाबांक आपयता । बाबा तेन्ना पावता भक्तां वांगडा ॥१७१॥ भक्तांचे पंगतीक श्रोतेय बसतात । प्रेमान उद्यापन कथा आयकतात । साईसमागम-आनंद भोगतात । दितात धेंकरूय तृप्तीचे ॥१७२॥ आपयनासतनाय कशे येतात । कशे पार्थीव रुपान प्रगट्टात । कशे निजभक्तांक उपकारी करतात । कशे जागयतात पावला पावलार ॥१७३॥ आसूं, हेमाड साईंक शरण । फुडले कथेचें हेंच मांडण । मांडून घेतले करून निरुपण । आपलें आपूण यथेश्ट ॥१७४॥ आश्रय दितलों शरणागताक । ह्या तांच्याच उतरांक । हेमाड वेंगायता चरणांक । करचो न्हय म्हूण पयस आपणाक ॥१७५॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । उद्यापन कथाकथनं नांवाचो हो चाळिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. अचूक.